# आर्मां पुलीस स्टेशनार जमा करपाचो आदेश

ता. 11 फेब्रुवारी 2019
22 माघ 1940

पोट-वेंचणूकेंच्या फाटभूंयेर उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिका-यान उत्तर गोंयातल्या सगळया परवानाधारक शस्त्रधारकांक आपली आर्मां ता. 13 फेब्रुवारी 2019 मेरेन आपल्या संबंदीत क्षेत्रातल्या लागीच्या पुलीस स्टेशनार जमा करपाचो आदेश दिला. वेंचणूक प्रक्रिया पूर्ण जालें उपरांत म्हळयार मतमेजणी सावन पाच दिसा उपरांत जमा केल्ली आर्मां परवानाधारक मालकांक परत करतले. वेंचणूकेच्या काळात आर्मां, तुबकां आनी घातक शस्त्रां लागी बाळगूपाक बंदी आसतली. वेंचणूक प्रक्रिया मुक्त, शांतीकाय आनी सुरळीत वातावरणात घेवपाक आनी कायदो आनी सुवेवस्था राखपाखातीर हो आदेश लागू केला.

खंयच्याय व्यक्तीक वा ताचे कुटुंब वा मालमत्तेक ख-यानीच धोको आसल्यार तशें पुलीस महासंचालकाक कळीत करून आवश्यक पुलीस सुरक्षा दिवपाची मागणी करची. पूण खंयच्याच परिस्थितीत वा उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिका-याकडल्यान परवानगी घेतले बगर आर्मां लागी बाळगूपाक मेळची ना.

ही बंदी कामावयले लोक सेवक, पुलीस, सैन्य अधिकारी, सुरक्षा अधिकारी, नॅशनल रायफल संघटनेचे वांगडी आशिल्ले खेळगडे आनी ज्या समाजातल्या सदस्यांक पूर्वापार चलत आयिल्लो कायदो, रितीरिवाजाप्रमाण शस्त्रां प्रदर्शित करपाची परवानगी आसा तांका ही बंदी लागू ना, पूण ते हिंसात्मक घडणूकांनी दोशी आसपाक जायना वा कायदो -सुवेवस्था आनी शांतता राखपाच्या कामात धोको आसपाक जायना.

मा/वाप/एनएन/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/93